**<u>नवो जुवारी पूल सप्टेंबरांत येरादारीक उकतो करतले- काब्राल</u>**

ता. 4 जुलय 2022

नव्या जुवारी पुलाची एक चार पदरी लेन फुडल्या सप्टेंबर म्हयन्यात येरादारी खातीर उकती करतले, अशें भौशीक बांदकाम मंत्री श्री. निलेश काब्राल हांणी सांगलें. पुलाची ही लेन 15 ऑगस्ट 2022 मेरेन पुर्ण जातली. श्री. काब्राल हांणी आयज नव्या जुवारी पुलाच्या बांदकामाची पळोवणी केली आनी सप्टेंबरांत उकती करपाच्या लेनीचे काम बेगीन पुर्ण करपाक संबंदीत अधिकाऱ्यांक आदेश दिले.

पुलाच्या दुसऱ्या चार पदरी लेनीचे बांदकाम मे 2023 मेरेन पुराय जातले, अशें श्री. काब्राल हांणी सांगलें. मुंबयच्या आयआयटी वतीन पुलाच्या बांदकामाचेर देखरेख दवरपात येता आनी पुलाखातीर लागपी सरळें सामान आदीच गोंयांत पाविल्लें आसा, अशींय म्हायती तांणी दिली.

केंद्रीय भौशीक बांदकाम विभागान ह्या पुलाखातीर नेमिल्लो चीनाचो कन्सल्टंट बदलून भारतीय कन्सल्टंट नेमला. पुलाच्या पयलीच्या आराखड्यात कसलोच बदल करूक ना. पुलाचेर पोलीमर प्रकाराचो डांबर घालतले. 36 मिटरांची कमान आनी 8 लेनींची रूंदाय आशिल्लो हो देशांतलो पयलो पूल आसा. पुलाच्या कमानींची वट्ट लांबाय 360 मिटर आसा.

राष्ट्रीय म्हामार्ग आनी पूल बांदकाम विभागाचे मुखेल अभियंते श्री. दिनेश गुप्ता, भौशीक बांदकाम खात्याचे प्रधान मुखेल अभियंते उत्तम पार्सेकर, मे. दिलीप बिल्डकॉनचे उपाध्य अतूल जोशी आनी हेर अभियंते आनी अधिकारी ह्या वेळार उपस्थित आशिल्लें. अधिकाऱ्यांनी भौशीक बांदकाम मंत्र्याक पुलाच्या बांदकामाची म्हायती दिली.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/445

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji